राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक बैसाखी सणाची परबीं

ता. 13 एप्रिल 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी 14 एप्रिल 2022 दिसा मनोवपात येवपी बैसाखी सणानिमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून शीख भावांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा,बैसाखी हो शीख भावांचो एक म्हत्वाचो सण, जो व्हडा उमेदीन आनी उत्साहान मनयतात. ह्या सणाक खुब धार्मिक म्हत्व आसा. 1699 वर्सा ह्याच दिसा धावें शीख धर्मगुरू गुरू गोविंद सिंग हांणी पंथ खालसाची स्थापणूक केली. हो सण वायंगणी पिकांच्या लुवणीच्या मोसमाकडेन संबंदीत आसा. ह्या सणान शीख समुदायाच्या नव्या वर्साक सुरूवात जाता. अशें सण आनी उत्सव म्हळ्यार उत्साह आनी समृध्दीचे प्रसंग आसा. तशेंच राष्ट्रीय एकजूट आनी सामाजीक सलोखो मजबूत करपा खातीर अशां सणां-उत्सवांची भुमीका सदाच म्हत्वाची थारल्या.

ह्या वर्सा सण आनी उत्सव आमी सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया. बैसाखी सण प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/256

काणकोणच्या विभाग वीज कार्यालयांक मोबायल नंबर

ता. 13 एप्रिल 2022

काणकोणच्या उपविभागीय वीज कार्यालयान गिरायकांक वीजेसंबंदीत कागाळीं नोंद करपा खातीर विभाग वीज कार्यालयांक मोबायल नंबर दिल्यात. चावडी- 7030951620, श्रीस्थळ- 7030951621, आगोंद- 7030951622 आनी पैगीण- 7030951623 . संबंदीत वाठारांतल्या गिरायकांनी हेल्पलायन नंबर- 1912 खेरीज वयल्या मोबायल नंबरावयल्यान संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/257

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji